**लॉकडावन काळ आनी सध्याच्या कोवीड-19 परिस्थितीचो बसकेत नियाळ**

ता. 04 मे 2020

लॉकडावनाक लागून राज्यात आडकून पडिल्ल्या लोकांक आपल्या गांवात वचपाखातीर खास रेल्वे सेवा सूरू जाल्या उपरांत गृह मंत्रालयाच्या मार्गदर्शक नेमांप्रमाण कसले उपाय घेवपाची गरज आसा हे विशीं आयज बसकेत चर्चा जाली. बसकेत कायदो आनी सुवेवस्था, ट्रकांची येरादारी, मदतकार्य आनी रावपाची वेवस्था आनी कोवीड-19 परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. लॉकडावनाचो काळ दोन आठवड्यांनी वाडयिल्ल्या फाटभूंयेर मंत्रालयान जारी केल्ल्या नव्या मार्गदर्शक नेमांचेर बसकेत चर्चा जाली.

नव्या मार्गदर्शक नेमांप्रमाण अत्यावश्यक सेवा सोडून लोकांक सांजेची 7.00 ते सकाळची 7.00 वरांमजगती भायर भोवपाक बंदी आसतली. सोरो विक्री दुकांना सांजेच्या 6.00 वरांचेर बंद जातली, जेणे करून अशा दुकानांनी काम करपी कामगार सांजेच्या 7.00 वरांपयली आपल्या घरा पावतले. तशेंच अशा दुकानांच्या मालकांनी सोशल डिस्टन्सिंग आनी हेर नेमांक पाळो दिवपाक जाय.

बाजार सांजेच्या 6.00 वरांचेर बंद जातले आनी सकाळच्या 8.00 वरांउपरांत उक्ते जातले. अत्यावश्यक सेवांखातीर वेळेचो हो नेम लागू आसचो ना. लोकांनी सोशल डिस्टन्सिंग, मास्काचो वापर, सॅनिटायजर, हॅण्डवॉशाचो वापर आनी हेर सुरक्षा नेमांक पाळो दिवपाक जाय.

नोडल ऑफिसर श्री. कुणाल हांणी भायल्या राज्यांतल्या कामगारांक तांच्या गावांनी धाडपाखातीर सूरू केल्ल्या उपायांची म्हायती दिली. अशा कामगारांची पंचायतीनी नोंदणी चालू आसून आतामेरेन 30,000 कामगारांनी नोंदणी केल्या आनी 90 टक्के कामगारांनी आपल्या घरा वचपाची इच्छा उकताल्या म्हणपाची म्हायती पंचायत संचालकान दिली.

सध्या राज्यात आदरातिथ्य सेवा बंद आशिल्ल्या कारणाक लागून वीजेचो वापर कमी जाल्ल्याची म्हायती मुख्य वीज अभियंत्यान दिली. सवाय धान्य दुकानांनी राशन वितरण सेवा वेवस्थीत चालू आशिल्ल्याची म्हायती नागरी पुरवण सेवा सचीवान दिली. फाल्याच्यान कदंब बशीतल्यान धान्य वितरावपाचे बंद करपाचो खात्याचो विचार आशिल्ल्याचेय तांणी सांगले. चालू आशिल्ली बांदकामां पावसाळ्या पयली पूर्ण करपा खातीर प्रयत्न करपाक संबंदीत यंत्रणांक सांगले.

राज्यातल्या आठ कॉरंटायन सुविधां केंद्रांनी मेळून 280 जाणांक कॉरंटायन केल्ले आसा, अशी म्हायती नोडल ऑफिसरान दिली.

राज्यात जीएसटी कमी एकटाय जाल्ल्याची आनी केंद्राकडल्यान वेळार भरपाय मेळपाक अडचण जातली. येणाऱ्या म्हयन्यांत निधीची कमतरता पडटली, अशी म्हायती वित्त सचीवान दिली.

बसकेत कदंब बस येरादारी सेवा, भात पिकाची लुवणी, भाज्यांची लागवड, चेकनाक्यांवयल्यान जावपी येरादारी आनी हेर संबंदीत विशयांचेर बसकेत चर्चा जाली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/219

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA